आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date :08/12/2025 7.20 pm

प्रादेशिक खबरो

मुखेल खबरो

- दक्षीण आशियातलो फामाद सेरेंण्डीपीटी महोत्सव अंदु गोंयात 12 ते 21 डिसेंबर ह्या काळात जातलो

- २० दिसेम्बेरक जावपी जिल्ह्यो पंचायत वेच्णुकेच्या प्रचाराक नेट आयला

- हडफडे बर्च बाय रोमियो लेन ह्या क्लबात घडिल्ल्या उजो लागपाच्या घडणूकेची चवकशी करपा तीर सरकारान दंडाधिकारी चवकशी समिती स्थापन केल्या.

- मडगावच्या इमॅक्युलेट कॉन्सेसाव सायबिणीचे फेस्त भक्तिभावान मनयले

------------

रश्मी १५५

दक्षीण आशियातलो सगळ्यात फामाद सेरेंण्डीपीटी महोत्सव अंदु गोंयात 12 ते 21 डिसेंबर ह्या काळात जातलो. ह्या कार्यावळीचे आयोजन मांडवी न्हंयच्या काठार तशेंच पणजेच्या वेगेवळया वाठारात जातले. ह्या महोत्सवात कला, तशेंच सामाजिक सर्जनशिलतीताय वेगवेगळ पैलु प्रेक्षकामुखार दवरतले. सेरेंण्डीपीटी महत्वात संसारभरातले कलाकार वाटेकार जातात. अंदु ह्या महोत्सवाचे धावे वर्स आशिल्लयान सेरेण्डीपीटीची 10 वे वर्स ह्या संक्लपनेचेर संसारीक पावंड्यावेले वेगवेगळे कलाकार आपली कलाकृती सादर करतले. जाल्यार देशातल्यान अहमदाबाद, दिल्ली , वाराणासी, चेन्नई , गुरुग्राम, ही राज्या तशेंच विदेशातल्यान दुबय, पॅरीसचे कलाकार ह्या कालकृती सादरीकरणात वाटो घेतले. ओल्ड जी.एम.सी वाठारात एक्सेस विलेज हो खाशेलो विभाग सेरेंण्डीपीटीत अंदु पळोवपाक मेळटलो. पेपर टू स्कल्पप्चर, पक्षीनिरीक्षण सत्राचे ह्या महोत्सवावरवी आयोजन केला. सायलंण्ट रिदम्स ह्या मुक कलाकार गटाचे कार्यावळीचे सादरीकरण ह्यावेळार जातले.तशेंच दिव्यांग व्यक्ती उर्बा दिवपी therefore I am ह्या खाशेल्या कार्यावळीचे ह्या वेळार आयोजन केला. हे शिवाय पोयम्स ओन द मुव्ह, डियर नोर्मल, सावंड

ऑफ सायलेन्स, सेन्सरी स्टोरीटेलिंग, पंचतंजत्र स्टोरीज,सिनेमा फोर एवरी सेन्स, पीलाटेज फ्लो सादरीकरण ह्या सारख्या कार्यावळीचो ह्या महोत्सवात सहभाग आसा.

९०हडफड्यां हांगा रोमियो लेन हांगाच्या बर्च नाईट क्लब◌ात घडिल्ल्या उजो लागपाच्या घडणूकेची चवकशी करपा खातीर सरकारान दंडाधिकारी चवकशी समिती स्थापन केल्या.

उत्तर गोंयचे जिल्हाधिकारी आनी जिल्हा दंडाधिकारी श्री अंकित यादव, आयएएस हांच्या अध्यक्षते खाला स्थापन केल्ल्या समितीत दक्षीण गोंयचे एसपी श्री टिकम सिंग वर्मा, आयपीएस, फॉरेन्सिक सायन्सेस संचालनालयाचे संचालक श्री आशुतोष आपटे, अग्निशमन आनी आपत्कालीन सेवा संचालनालयाचे उपसंचालक श्री राजेंद्र ए. हळदणकर हांचो आस्पाव आसा.

ही समिती घडणूकेक कारणीभूत थारिल्ली रणां,कायदेशीर परवान्यांची तपासणी, प्रतिबंधात्मक उपाय, मालक आनी हेर संबंदीत यंत्रणेची जापसालदारकी आनी हेर गजालींचे परिक्षण करून आपलो अहवाल दितली.

मजगती राज्य आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणान गोंयांतल्या सगळ्या नाईट क्लब, रेस्टॉरंट, बार, इव्हेंट स्थळ आनी तत्सम आस्थापनांक सात दिसां भितर अंतर्गत सुरक्षेचें ऑडिट करपाक सांगला तशेच जिल्लो अधिकारी, उजो पालोवपी दळ वा एसडीएमए अधिकृत पंगडांक तपासणे खातीर अहवाल तयार दवरपाचो निर्देश दिला. पाळो दिवंक ना जाल्यार परवाने बंद, स्थगीत वा रद्द करप आनी आपत्ती वेवस्थापन कायदो, 2005 आनी हेर लागू आशिल्ल्या कायद्याच्या कलम 51 (ब) खाला खटलो चलोवपाची शिटकावणी दिल्या. हालींच आर्पोराच्या नाईट क्लबांत जाल्ल्या उज्याच्या घड्नुकेत 25 जाणांक मरण आयिल्ल्यान हो निर्देश दिला. तशेंच उजो, वीज, संरचनात्मक आनी आपत्कालीन सुरक्षेच्या नेमांक खरपणान पाळो दिवपाचे निर्देश एसडीएमएन आस्थापनांक दिल्यात.

DIP ५५

नौदळान 12 डिसेंबराक हेडलॅण्ड सडा-मुरगांव हांगा नौदळाच्या जवानांखातीर सकाळी 9.00 ते दनपारा 1.00 वरां मजगती फारपेट सराव प्रशिक्षण आयोजीत केला. मुरगांव हेडलॅण्ड सडासावन दर्यावटेनच्या 15 मैल वाठारामेरेन फारपेट सराव जातलो आनी ह्या वाठारांत प्रवेश करप धोक्याचें आसतले. ते खातीर फारपेट सरावाच्या काळात बोटी, बार्जी आनी हेर नाविकांनी धोक्याच्या दर्या वाठारांत प्रवेश करचो न्हय, अशें कळीत केला..

जाण १४०

फर्मागुडी.पी.ई.एस. रवी नाईक कला आनी विज्ञान महाविद्यालय, प्राणीशास्त्र विभागान उच्च माध्यमिक विद्यार्थी वर्गांखातीर "लॅब टू नेचर : अ सायन्टिफिक जर्नी" ह्या नांवान पांच दिसांची शिंयाळी कार्यशाळा घडोवन हाडल्या. प्राणीशास्त्र खातें, गोवा राज्य संशोधन फावंडेशन (जीएसआरएफ) हांच्या सहकार्यान ही कार्यशाळा जातली. 26 ते 30 डिसेंबर 2025 मेरेन ही कार्यशाळा जातली अशे आयोजकांनी कळीत केलां. वर्गांतल्या शिकपाक प्रयोगशाळेंतल्या आनी शेतकी अणभवांक जोडप असो ह्या उपक्रमाचो हेत आसा, उच्च माध्यमीक विद्यार्थ्यांक प्रत्यक्ष निरिक्षण, प्रयोग आनी संशोधना वरवीं प्राणीशास्त्र आनी सैमीक शास्त्राच्या आकर्शक संवसाराचो सोद घेवपाची प्रेरणा दिवप अशोय गजाली हांतूतल्यान जावपाक शकता. इकरावेच्या विज्ञान फाट्याच्या विद्यार्थ्यां खातीर ही कार्यशाळा उक्ती आसा. दरेक उच्च माध्यमीक शाळेंतल्यान पांच विद्यार्थी नामांकन घेवपाक शकतात. फर्मागुडी.पी.ई.एस. विज्ञान महाविद्यालयाच्या "लॅब टू नेचर : अ सायन्टिफिक जर्नी" ह्या कार्यशाळेखातीर नोंदणी करपाक प्राणिशास्त्र विभागाचे प्राध्यापक डॉ. किरण गावडे हांचेकडेन संपर्क करचो अशे फर्मागुडी.पी.ई.एस. रवी नाईक कला आनी विज्ञान महाविद्यालयान मांगला.

प्रसाद २३०

राष्ट्रीय न्यायालयीन विज्ञान विद्यापीठ (एनएफएसयू), गोवा कॅम्पसान "तपास संचालनालया खातीर डिजिटल फॉरेंसिक, येणावळ कर" ह्या विशयाचेर पांच दिसांच्या प्रशिक्षण कार्यावळीच्या धाव्या गटाचें उक्तावण केलें "

सुशांत ५५

पवित्र सायबिणीचे म्हळयारच इमॅक्युलेट कॉन्सेसाव सायबिणीचे फेस्त आज भक्तीभावान मनयले.
त्या निमितान आज मडगावच्या इगर्जेत मिसा जालीं . मुखेल मीस फा. व्हिक्टर फेर्राव हांणी सांगले.
सायबिणीन घालून दिल्ले वाटेवेल्यान लोकांनी चलचे असो उलो ताणी मारलो.
८ डिसेंबर ह्या दिसा पुराय संवसारात इमॅक्युलेट कॉन्सेसाव सायबिणीचे फेस्त मनयतात. पाड्डे हंगाच्या इमॅक्युलेट कॉन्सेसाव सायबिणीक ओपिल्ले इगर्जेतय हे फेस्ट भक्तिभावान मनयले.

११५

मुखेल वेचणूक आयोगान चालिक लायील्ल्या SIR मोहिमेक गोय राज्यातले मतदार बरो प्रतिसाद दीयत आसा .मुखेल वेचणूक अधिकारी कार्यालयान आयज जाहीर केले प्रमाण सांजे ४ मेरेन आतामेरेन लाख हजार मतदारांनी गणना फॉर्म सादर केल्यात जे वट ११ लाख ८५, हजार ३१४ तदारांपैकी ९८.३३% आसात - ते एकठाय केलात आणि त्यांचे डिजिटायझेशन केला. आजून मेरेन ज्या मतदारांनी आपले गणना फॉर्म सादर करूंक ना ताणे ते बेगीनात बेगीन मुख्य वेचणूक अधिकारी कार्यालयान सादर करची अशे

कार्यालयान मागला . फॉर्म सादर करपाची निमणी तारीख ११ डिसेंबर मेरेन वाड्यल्या ., मतदार त्यांचे गणना फॉर्म voters.eci.gov.in या पोर्टलावरवी ऑनलाइन सादर करू शकतात.

गोवा विद्यापीठाचे कौशल शिरगावकर हाणी एसआयआर २०२६ विशी आपलो दृष्टिकोन मांडलो तशेच सहभाग आणि जागरूकतेचे महत्त्व अधोरेखित करताना, सांगले

१५५
हवामान३५

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडात चड तापमान ३3 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान २१.६ औंश सेल्सिअस नोंद जाला.तशेच मुरगावात चडात चड तापमान ३3.४ औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान २१.8 औंश सेल्सिअस नोंद जाला .फुडले काय दिस राज्यत हवामान सुकें उरपा संयत सकाळींच्या वेळार धुकें पाताळपाची शक्यताय खात्यान उक्तायला

खेळ ४५

एफसी गोवापंगडन तिसरे खेपे एआयएफएफ सुपर कपफुटबॉल सर्तीचे वस्तदपण जिखले , फातोर्डा स्टेडियमांत जाले खेळात एफसी गोयपंगडन पेनल्टी शूटआउटांत ईस्ट बंगाल पंगडाचर 6आड 5 अशे जैत जोडले .

---------